# भारतीय रेडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखेची बसका

ता. 12 जानेवारी 2023

गोंयचे राज्यपाल श्री पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांचे अध्यक्षतेखाला काल राजभवनार भारतीय रेडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखेची वर्सुकीं बसका जाली.

बसकेत उलयतना राज्यपालांनी रेडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखेच्या कामाची तोखणाय करून गोंय शाखेन आपल्या कार्याची व्याप्ती वाडोवन आपले कार्य गरजू लोकांमेरेन पावोवपाची सुचोवणी केली.

फुडें उलयतना राज्यपालान म्हणले, सैमिक आपत्तीच्या वेळार पिडीतांक मदत करपाखातीर भारतीय रेडक्रॉस संस्थेच्या स्वयंसेवकांनी सदाच मुखार आसपाक जाय. संस्था मानवतेच्या हिताखातीर कार्य करता. समाजातल्या गरजू लोकांक मदतीचो हात दिवपाखातीर सेवा दिता. राज्यपालान मानवतावादी सेवेखातीर गोंय शाखेक सगळ्या तरेचे सहकार्य करपाचेय उतर दिले.

सुरूवातीक राज्यपालान रेडक्रॉस संस्थेचे जनक जीन हेन्री ड्युनंत हांच्या प्रतिमेक फुलाहार घालून आर्गां ओपली.

उत्कृश्ट सेवेखातीर राष्ट्रीय पांवड्याचेर भांगरा पदक फावो जाल्ले गोंय शाखेचे अध्यक्ष गौरीश धोंड हांचो राज्यपालांच्या हस्तुकीं ह्या वेळार सत्कार जालो.

गोंय शाखेचे उपाध्यक्ष मांगिरीश पै रायकर हांणी फाटल्या बसकेचो नियाळ वाचलो.

गोंय शाखेचे आश्रयदाते राजेश व्ही. धेंपो आनी यतीश धेंपो हांचोय राज्यपालांच्या हस्तुकीं ह्या वेळार सत्कार केलो.

गोंय शाखेचे अध्यक्ष गौरीश धोंड हांणी येवकाराच्या उलोवपात संस्थेच्या कार्याची म्हायती दिली. गोंयांत सुमार 1500 टीबी रुग्ण आसून तांतूतल्या 72 गरजू व्यक्तींक संस्था मदत करता. तशेंच हेर समाज कल्याणकारी उपक्रमांवरवी गरजू लोकांक मदत करपाचे कार्य संस्था करता. तांणी संस्थेच्या कार्याक सहकार्य करपी सगळ्यांचे उपकार मानले.

श्री. मारियो पिंटो हांणी वर्सुकीं अर्थसंकल्प सादर केलो. गोंय शाखा कचेरीचे कर्मचारी श्री रिओ कुटो हांचोय राज्यपालांच्या हस्तुकीं सत्कार केलो.

डॉन बॉस्को हायस्कूलाच्या विद्यार्थ्यांनी राष्ट्रगीत आनी रेडक्रॉसचे गीत सादर केले.

वास्कोचे आमदार श्री दाजी साळकर, डॉ शेखर साळकर; अॅड. इशान उसपकर, डॉ.दिगंबर नाईक; श्रीमती सुवर्णा फोन्सेका आनी हेर वांगडी बसकेक उपस्थित आशिल्लें.

वेवस्थापकीय समितीचे वांगडी श्री. चंद्रकांत गावस हांणी बसकेक उपस्थित आशिल्ल्या सगळ्यांचे उपकार मानले.

म्हा /सप ऑपे / विगां/ 2023/53

--

-----------------------------------------------------------------------------------------
---------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.